पणजि Regional 20.6.25 at 7.20 pm

मुखेल खबरो

- गोंय सरकारान गोंयची  दायज थंळा , आनी वाठार जतनाय धोरण चालीक लायला
- प्रादेशिक पासपोर्ट कार्यालय गोंयान नागरिकांक पासपोर्ट सेवा मेळपाक सुदारणा करपाच्या हेतान   मोबायल पासपोर्ट व्हॅन सुरू केल्या.
- गोवा ओपन इनोवेशन चेलेंज expo चे उक्तावण मुखेलमंत्री दर. प्रमोद सावंत आणि पर्यटनमंत्री रोहन खंवटे हांचे हसतुकी जाले
- संस्कृती मंत्रालय देशातल्या 100 पर्यटन थळांचेर फल्या 11वो आंतरराष्ट्रीय योग दीस मनयतले
- वेगवेगळया कंपनीच्य कामगांराचे उरील्ले जेवण घेंवन ते भुकेल्लयाक  दिवपाचे काम गोंवा स्ट्रीट प्रोविडंन्स ह्या संस्थेन केला.

Rashmi 140

गोंय सरकारान गोंयची  दायज थंळा , आनी वाठार जतनाय धोरण चालीक लायला.  ह्या धोरणाची अंमलबजावणी पाच टप्यात जातली अशी म्हायती पुरातत्व खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी पर्वरे मंत्रालयात घेतिल्लया पत्रकार परीशदेवेळार दिल्या.गोंयची दायज थंळा, इतिहासिक वास्तु, लोककला, लोकनाच, लोकसंस्कृताय,जैव विविधताय राखीव सुवाती, आदल्या काळातली वास्तुरचना आशिल्ली खासगी घरां, तशेंच हेर बाबींचे संर्वधन करपाच्या नदरेतल्यान हे धोरण काम करतले.सध्या अशी  122 घरा सरकाराकडे नोंदणी केल्ली आसा. ह्या धोरणावरवी ‘गोयचे दायज संकलन येवजण’

गोंय सरकार चालीक लायतली. हांतुन गांवगिऱ्या वाठारातले पुरात्तव महत्व आशिल्ले वास्तुची संशोधन करुन ताचे दस्तएवज तयार करुन ते पुरातत्व खात्यात आर्कायव्हस स्वरुपात उपलब्ध आसतले अशी म्हायती मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दिल्या. हे शिवाय इंन्डो पोर्तुगीज, तशेंच पर्तुगीज तेपावयली आदल्या घरांक सरकार रिण दिंवन ह्या घरांची जतनाय करुन तांक पर्यटन थंळ म्हण प्रसिद्द करतले. हांतुल्यान येनावळ मेळोवपाच्या नदरेतल्यान लेगीत काम जातले अशी म्हायती मंत्री फळदेसाय हांणी दिल्या.

Khaunte 15

गोवा ओपन इनोवेशन चेलेंज expo चे उक्तावण मुखेलमंत्री दर. प्रमोद सावंत आणि पर्यटनमंत्री रोहन खंवटे हांचे हसतुकी जाले हे वेळार उलयताना मंत्री खावटे हाणी म्हळे की

पासपोर्ट 140

नागरिक सेवा वाडोवपाचे दिकेन एक म्हत्वाचे पांवल म्हण परराश्ट्र मंत्रालयाच्या खाला प्रादेशिक पासपोर्ट कार्यालय गोंयान नागरिकांक पासपोर्ट सेवा मेळपाक सुदारणा करपाच्या हेतान मोबायल पासपोर्ट व्हॅन सुरू केल्या.

पासपोर्ट अधिकारी निजो वर्गीस, ह्यांनी पासपोर्ट व्हॅनाक पांचवो बावटो दाकयलो. निमाण्या मैलाची जोडणी घटमूट करपा खातीर आनी पासपोर्ट संबंदीत सेवांचो विनाशिल प्रवेश सुनिश्चीत करपा खातीर ही व्हॅन सुरू केल्या, खास करून गोंयच्या पयसुल्ल्या वाठारांनी पासपोर्ट सेवा सुनिक्षित करपा खातीर ही van सुरू केल्या

उक्तावण सुवाळयांत उलयतना वर्गीस हांणी सांगलें की , ही Mobile Passport Van पासपोर्ट सेवा लोकांमेरेन पवोवपाच्या आमच्या वचनबद्धतेचो एक भाग आसा .

अर्ज सादर करप , कागदपतरांची पडताळणी आणि बायोमेट्रिक डेटा संकलन यासारख्या महत्त्वाच्यो सेवा सुलभ करपाखतिर ही व्हॅन सुसज्ज आहे.चडान चड सहभाग सुनिश्चित करपाखतिर तालुक्यांक आनी गांवांक नियोजीत भेटी आदींच जाहीर करतले.

हो नागरिक केंद्रीत उपक्रम देशाच्या दर एका कोनशाक सोयीस्कर, पारदर्शक आनी कार्यक्षम पासपोर्ट सेवा दिवपाच्या परराश्ट्र मंत्रालयाच्या दृश्टीकोनाचो भाग आसा

योग 40

संस्कृती मंत्रालय देशातल्या 100 पर्यटन थळांचेर फल्या 11वो आंतरराष्ट्रीय योग दीस मनयतले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयुष मंत्रालयान विशाखापत्तनमांत आयोजीत केल्ल्या मुखेल कार्यावळींत वांटेकार जातले .मजगती आयुष राज्यमंत्री प्रतापराव जाधव हांणी योग ही एक जिणेपद्दत आसून योगाचो दिसपट्ट्या जिणेंत आस्पाव करपाचो उलो मारलो .

Rashmi 130

वेगवेगळया कंपनीच्य कामगांराचे उरील्ले जेवण घेंवन ते भुकेल्लयाक दिवपाचे काम गोंवा स्ट्रीट प्रोविडंन्स ह्या संस्थेन केला. फाटल्या एका वर्साच्या काळात एकुण 13 कंपनीच्या कामगाराचे जेवण फ्रीझ करुन ते भुकेल्लया गरजुंक दिवन सुमार एक हजार किलो अन्न नाशाडी जावपापासून वाचोवन , गरजुक दिवपाचे काम ह्या बिगर सरकारी संस्थेन केला. ज्या कंपन्यांनी ह्या बऱ्या कामाक हातभार लायलो त्या कंपन्याक आयज कारखानो आनी बाश्पक खात्याचे मंत्री निळकंठ हळ्र्णकार हांच्या हस्तुकी तुस्त करपी प्रशस्तीपत्रका दिली.

गोंय सरकारान फुडारात अशा पंचायत, पर्यवरण खाते, कारखानो आनी बाश्पक खाते, तशेंच कामगार खात्याच्या जोडपालवान अन्न वाचोंवन तो गरजुंक दिवपाचो उपक्रम चालीक लायत जाल्यार अन्न नाशाडी जावप वाचतले, ताचो सदउपयोग जातलो ,अन्नाचो बऱो उपेग जावन ते पेडयार जावन कोयरात वच्चे ना अशे संस्थेचे अध्क्ष डोनाल्ड फर्नाडीस हांणी म्हणला. मंत्री निळकंठ हळर्णकार हांणी ह्यावेळार संस्थेच्य कामाची तशेंच ह्या उपक्रमाक हातभार लायिल्लया कंपनींची तुस्त केला.

Prez 25

जिणेच्या सगळया मळार दिव्यांग जनांक प्रोत्साहन दिवपाचें म्हत्व राष्ट्रपति  द्रौपदी मुर्मू हांणी उत्तायलां. राष्ट्रपती मूरमु  आयज देहरादूनांतल्या नॅशनल इन्स्टिट्यूट फॉर द एम्पावरमेंट ऑफ व्हिज्युअल डिसएबिलिटीजांच्या  विद्यार्थ्यांक संबोधीत करताली .

Jaan  100

फोडेंच्या शारदा प्रतिष्ठान संस्थेन गोवा मराठी अकादमीच्या  जोडपालवान पटकथा लेखन कार्यशाळा आयोजीत केल्या. ही कार्यशाळा गोंयकार विद्यार्थी आनी चित्रपट वेवसायांत वा चित्रपट निर्मिती कडेन पावला उबारपी उमेदवारांक उत्ती आसा अशें शारदा प्रतिष्ठानच्यो जाळवणदार आनी ह्या कार्यशाळेच्यो संयोजक दीपा मिरिंगकर हांणी सांगले. शारदा प्रतिष्ठान सभाघर एफ् ४, पै हाऊस, गोवा अर्बन बँकेच्या वयर, सदर, फोंडा- गोंय  हांगा जावपी ह्या कार्यशाळेंत वांटेकार जावपाक २३ जून आदी नांव नोंदणी करची अशें मांगलां. ही पटकथा लेखन कार्यशाळा २८ आनी २९ जून २०२५ ह्या दिसां सकाळी ९.३० ते सांजे ५.३० वरां मेरेन जातली

Dip apatti 80

आपत्ती वेवस्थापन क्षेत्रांत व्यक्तीनी  आनी संस्थांनी केल्ल्या उत्कृश्ट वावराची दखल घेवपा खातीर केंद्रीय गृह मंत्रालयाच्या राष्ट्रीय aapatti प्रबंधन प्राधिकरणा वतीन दर वर्सा “सुभाषचंद्र बोस आपदा प्रबंधन पुरस्कार” भेटोवपात येतात. ह्या पुरस्कारांची घोशणा प्रत्येक वर्सा 23 जानेवारीक नेताजी सुभाषचंद्र बोस हांच्या जयंती दिसा करतात.

2026 वर्साच्या सुभाषचंद्र बोस आपदा प्रबंधन पुरस्कारां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयल्यात. ऑनलायन अर्ज प्रक्रिया 1 मे सावन सुरू जाल्या आनी ती 30 सप्टेंबर 2025 मेरेन चलतली.

sports 60

आंतरराष्ट्रीय टेनिस महासंघ (ITF)न जाहीर केला की भारत या वरसा नोव्हेंबरात पयलेच फावट बिली जीन किंग कप २०२५ प्ले-ऑफचे आयोजन कर तलो लंडनात ड्रॉ जाहीर करताना ITF न ही घोषणा केली. बेंगळुरूतल्या एस एम कृष्णा टेनिस स्टेडियमार १४ ते १६ नोव्हेंबर मजगती प्ले-

ऑफचे आयोजन करपी सात देशांमदी भारता चो समावेश आसा भारताव्यतिरिक्त, अर्जेंटिना, ऑस्ट्रेलिया, क्रोएशिया, जर्मनी, मेक्सिको आणि पोलंडची लेगीत यजमान म्हणून निवड केल्या

तापमान 40

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण कमाल तापमान बत्तीस डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान सव्वीस पूज्य पाच डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला  राज्यात काय सुवातिनि नेटाचो पावस पडू येता तशेच वारे 40 ते 50 किलोमीटर वेगान व्हावतले असो आदमास वेध शाळेन उकतायला

आनी आता खबरो सोपोवचे पायली परत एक फावत काय मुखेल खबरो

गोंय सरकारान गोंयची  दायज थंळा , आनी वाठार जतनाय धोरण चालीक लायला.

प्रादेशिक पासपोर्ट कार्यालय गोंयान नागरिकांक पासपोर्ट सेवा मेळपाक सुदारणा करपाच्या हेतान मोबायल पासपोर्ट व्हॅन सुरू केल्या.

गोवा ओपन इनोवेशन चेलेंज expo चे उक्तावण मुखेलमंत्री दर. प्रमोद सावंत आणि पर्यटनमंत्री रोहन खंवटे हांचे हसतुकी जाले

संस्कृती मंत्रालय देशातल्या 100 पर्यटन थळांचेर फल्या 11वो आंतरराष्ट्रीय योग दीस मनयतले

वेगवेगळया कंपनीच्य कामगांराचे उरील्ले जेवण घेंवन ते भुकेल्लयाक  दिवपाचे काम गोंवा स्ट्रीट प्रोविडंन्स ह्या संस्थेन केला.

आनी इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपलयो.